**Date: 13/04/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM**

**Panaji National 13 April 2026 6:30 am**

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं प्राप्ती गांवकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

**मुर्मू 65**

आज गुजरातांत जाल्ल्या एम्स  राजकोटाच्या पयल्या दीक्षांत सुवाळ्याक राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू  हाजिर अशिल्ळयो . ह्या वेळार एम्स राजकोटाच्या पयल्या गटांतल्या सुमार 50 विद्यार्थ्यांक ताणी पदवी प्रदान केली.  फाल्यां गांधीनगरांतल्या 'लोकभवन' हांगा डॉ बाबासाहेब आंबेडकरांच्या जयंतीनिमितान जावपी 'सामाजिक समरसता महोत्सवात राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू वाटेकार जातल्यो .

**मोदी 90**

भारताची नारी शक्ती कश्ट, धैर आनी आत्मविस्वासांतल्यान ऊचेल्या पावंडयार पावल्या. बायलांक सशक्त करपा खातीर सगळयांनी एकठांय येवपाचो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला. भारत

एकवीसाव्या शेंकड्यांतलो एक व्हडलो निर्णय घेवपाचो आसा आनी हो निर्णय बायलां सशक्तीकरणा खातीर समर्पित आसा अशे आयज नवी दिल्लींत नारी शक्ति वंदन सम्मेलनांत उलयतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

बायलांचो सहभाग देशाची लोकशाय घटमूट करता. हाका लागून लोकशायेंत बायलांक आरक्षण दिवपाची गरज आसा, हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भर दिलो. स्वातंत्र्य संघर्शासावन संविधान सभेच्या निर्णया मेरेन स्वतंत्र भारताची बुन्याद घालपाक भारतीय बायलांचें अफाट योगदान आसा अशें तांणी सांगलें.

**राजनाथ 55**

फाटल्या कांय वर्सांत भारतान खेळां मळार आपली छाप सोडल्या, आनी फाटल्या 11 वर्सांत खेळां मळार नवे  युग सुरू जाला अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी लखनौंवांत 'संसद खेल महाकुंभान उलयताना सांगले. तीन दिसांचो संसद खेल महाकुंभ लखनौच्या k. d सिंग बाबू स्टेडियमांत आयोजीत केला. आयज सकाळीं लखनौ हांगा जाल्ल्या संसद खेल महाकुंभ कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ते उलयताले.

**कुरैशी 90**

सरकारान प्रधान मंत्री electric drive revolution in innovative vehicle enhancement म्हळयार पीएम ई-ड्रायव्ह येवजणे खाला इलेक्ट्रीक तीन चाकी वाहनां खातीर अनुदान आनीक दोन वर्सां खातीर वाडयला अशे आयज दनपारां नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना उद्देग मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव डॉ.हनीफ कुरैशी हांणी सांगलें.

देशभरांत एलपीजीची पुरवण बरी आसा. अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून पुरवण साखळींत कसलीच आदमेळी येवची न्हय हे खातीर आनी गैरवापर टाळपा खातीर ओटीपी आदारीत घरगुती एलपीजी वितरणाची पद्दत निश्चीत केला अशे आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें.

**बायोमेट्रीक 60**

फटीचे आनी बनावट मतदान तपासपाखातीर मतदान केंद्रांचेर बोटांचे छाप आनी आयरिस आदारीत बायोमेट्रीक वळख पद्दत चालीक लावपाची याचिका सादर केल्या उपरांत सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र सरकाराक आनी वेंचणूक आयोगाक हे विशी नोटीस जारी केल्या. चालू विधानसभा वेंचणुकेंत हो प्रस्ताव चालीक लावंक मेळना, पूण संसदीय वेंचणुकांसयत फुडल्या वेंचणुकांखातीर ताची कार्यक्षमताय पळोवपाची गरज आसा अशें मुख्य न्यायाधीश सूर्यकांत हांच्या फुडारपणा खाला खंडपिठाचे निरिक्षण आसा.

**रॉकेट हल्लो 45**

अफगाणिस्तानांतल्या खास कुनार जिल्ह्यांतल्या शाली दारा वाठारांत पाकिस्तानी सैन्यान रॉकेट हल्लो केला. हल्ल्या उपरांत थळाव्या लोकांनी वाठारांत भंय निर्माण जाल्ल्याची म्हायती दिल्या. पूण प्रसार माध्यमांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण जखमी वा लुकसाण हांचे संबंदीची म्हायती मेळूंक ना.तालिबान अधिकाऱ्यांनी अजून हे घडणुके विशीं कसलीच म्हायती दिवंक ना.

**खेळ 20**

आयपीएल क्रिकेटांत आयज सनरायझर्स हैदराबाद आनी राजस्थान रॉयल्स या पंगडां मदि हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय मैदानाचेर खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो सामनो जावपाचो आसा.

**हवामान 55**

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत अरुणाचल प्रदेशात गडगड आनी जोगलांसयत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फाल्यां आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा या राज्यांनी जोगलां आनी वादळी वाऱ्यासायत गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.